०९-०२-२०२६

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुखेलमंत्री - ७०

साखळेची ८०% उदरगतीची कामा पूराय जाल्यात. एकंदरीत साखळेत पूरायपणात उदरगत करपाची मोख आसा अशें साखळेचे आमदार आनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगला. साखळे म्युनिसिपल लायब्ररी आनी जेश्ट नागरीकांखातीर आशिल्ल्या मनरीजवण केंद्राच्या उक्तावण सुवाळ्यात ते उलयताले. Byte

हे वेळार ईगल स्पोर्ट्स क्लबच्या कार्यालयाचे उक्तावण केले. लोकांच्या तेक्याक लागून सगळी कामा शक्य जाल्यात अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळा. हे वेळार नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्ष सिद्धि प्रभू पोरोब आनी अध्यक्ष प्रशांत फातर्पेकार हाजीर आशिल्ले.

**गोवा शालांत मंडळ**

गोवा शालांत मंडळाच्या भांगरा उत्सवी वर्सा निमतान परवरे मंडळाच्या वास्तूत आयज खासा कार्यावळीचे आयोजन केलां. ह्या कार्यावळीक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. आयज सकाळी साडे धा वरांचेर जावपी ह्या कार्यावळींत , ज्ञान व्दार , गुरुकुल , रत्न संकलन , लोक पथ , विज्ञान आनी कला प्रदर्शन , परख केंद्र , प्रज्ञा पथ अशा वेगवेगळ्या सुवांतींचे उक्तावण जातले. परीशद सभाघराचे नामकरण , बोध चिन्हाचे अनावरण तशेंच हेर कार्यावळी लेगीत फाल्या जावपाच्यो आसात. मुखेलमंत्र्यांसयत , पर्यटनमंत्री रोहन खवंटे , आमदार कृष्णा साळकर , शिक्षण सचिव प्रसाद लोलयेकर , शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे , गोवा शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये , उपाध्यक्ष रुपेश ठाणेकर आनी सचिव विद्यादत्त नाईक हाजीर रावतले.

**पुस्तक महोत्सवाचो आयज समारोप 130**

नॅशनल बुक ट्रस्ट ऑफ इंडिया आनी लोकमान्य कल्चरल फावंडेशन हांच्या जोड पालवान कांपालाचेर आयोजीत केल्ल्या गोंय पुस्तक महोत्सवांत उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो. 4 फेब्रुवारीक सुरू जाल्ले महोत्सवाचो काल राती समारोप जातलो. हे महोत्सवाक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे सयत तरेकवार मानेस्तांनी भेट दिली. तरेकवार कार्यावळी जाल्या. निमणे दिसा आमदार विजय सरदेसाय हांणी पुस्तक महोत्सवाक भेट दिली. पुस्तक महोत्सवात तरेकवार विशयांची पुस्तका आशिल्ली. पुस्तका पळोपा सयत ती खरेदी करपा खातीर लेगीत बरीच गर्दी जाली.वेदांत अगरवाल हांणी प्रस्नोत्तरा वरवीं लेखकां कडेन संवाद सादलो. ह्या सत्रांत 'राष्ट्र प्रथम' ही संकल्पना नेमकी कितें सांगता, ती फकत घोशणां पुरती मर्यादीत आसा काय तिचो व्यापक आशय आसा, हाचेर सविस्तर विचार मांडले.उदय माहुरकर हांणी आपल्या पुस्तकांतल्यान मांडिल्ल्या विचारांचो केंद्रबिंदू स्पश्ट करतना राष्ट्रीयत्व म्हळ्यार भावनीक घोशणा न्हय, जाल्यार सत्याचेर आदारीत, कर्तव्यप्रधान आनी देशहिताला प्राधान्य दिवपी भुमिका आसा, अशें सांगलें.

**50 dwarming**

10 फेब्रुवारी 2026 दिसा पुराय गोंयांत राष्ट्रीय कृमिनाशक दीस मनयतले. ह्या फेरयेंत 1-2 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या सगळ्या भुरग्यांक कृमीनाशक गोळी आल्बेंडाझोल 200 मिग्रॅ आनी 2-19 वर्सां पिरायेच्या गटांत आल्बेंडाझोल 400 मिग्रॅ. हे कार्यावळींत येस मेळोवपा खातीर पालक, शिक्षक आनी आंगनबाडी कार्यकर्त्यांनी आपलो पुराय सहकार दिवचो अशी विनंती आसा.

हवामान-

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायतीप्रमाण पणजे चडानचड तापमान ३४.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यात उणे २१.१ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. मुरगांवा चडानचड तापमान ३५ अंश सेल्सियस आनी उण्यात उणे २१. अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

क्रिकेट - ११०

आयसीसी दादल्यांच्या संवसारीक क्रिकेट वस्तादपण सर्तीत काल राती कोलंबोत जाल्ल्या खेळात येजमान श्रीलंकेन आयर्लंडाक २० धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना श्रीलंकेन निर्धारित २० षटकांत स बाद १६३ धावंड्यो केल्ल्यो. तेउपरांत आयर्लंडचो डाव १९.५ षटकांत १४३ धावंड्यात सोपलो.

तेआदी मुंबईत जाल्ल्या खेळात इंग्लंडान नेपाळाक चार धावंड्यांनी हारयले. तर चेन्नईत जाल्ल्या आनीक एका खेळात न्यूझीलंड पंगडान अफगाणिस्तान पंगडाक पाच गड्यांनी हारयले.

आयज कोलकातात स्कॉटलंड पंगड इटली आड खेळतलो. हो खेळ सकाळी ११ वरांचेर जातलो. कोलंबोत दनपारा ३क  झिम्बाब्वे ओमान पंगडा आड जाल्यार अहमदाबादेत सांजे ७क दक्षिण आफ्रिका कॅनडा  पंगडा आड खेळतले.